Aakashvani Panaji National news 8.40 am 6th October 2025

Amit shah

केंद्रीय घर  आनी सहकार मंत्री अमित शाहान महाराष्ट्रांतल्या अहिल्यानगर जिल्हयांतल्या कोपारगांवांतल्या सहकार महर्षी शंकराव कोल्हे सहकारी साकर कारखान्यांत भारताच्या पयल्या सहकारी आदारीत संपीडित जैव-गॅस (सीएनजी) आनी स्प्रे ड्रायर पोटॅश कणिका प्रकल्पाचें उक्तावण केलां. देशभरांतल्या 15 सहकारी साकर कारखान्यांत अशेच तरेचे युनिट स्थापन करतले आनी महाराष्ट्राची मुखेल भुमिका आसतली अशें तांणी जाहीर केलें. शाहान इथेनॉल प्रकल्पांत विविधताय हाडपाची आनी वर्तुळाकार अर्थवेवस्थेक चालना दिवपाची गरज आसा हाचेर भर दिलो .केंद्र सरकारान राष्ट्रीय सहकारी उदरगत म्हामंडळा वरवीं (एनसीडीसी) 15 सहकारी साकर कारखान्यांक अर्थीक आदार दिला आनी स वर्सांत ₹11,300 कोटी वाटपा वांगडा 'पल्स स्वावलंबन मिशन' सुरू केलां अशें मंत्री हांणी फुडें सांगलें. मसूर, मूंग, मोसंबी, चणे, तुर, जवार, सोयाबीन, कापूस, गंव ह्या मुखेल पिकां खातीर सरकारान उण्यांत उणें आदार दर (एमएसपी) वाडयला आनी देशभरांतल्या 38 लाख शेतकारांक उंचेल्या दर्जाचे बियाणें किट वांटपा खातीर 1 हजार प्रक्रिया युनिट स्थापन करपाची येवजण आसा अशें तांणी सांगलें. ह्या सुवाळ्याक मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, उपमुख्यमंत्री एकनाथ शिंदे आनी अजीत पवार, केंद्रीय सहकार राज्यमंत्री मुरलीधर मोहोल, मंत्री राधाकृष्ण विखे पाटील आनी गिरीश महाजन, आनी हेर जायते मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

Patna

आयज मुखेलमंत्री  नीतीश कुमार पाटणा मेट्रो रेल्वे सेवेच्या पयल्या पांवड्याचे  उक्तावण करतले. सुमार ३.६ किलोमीटर लांब उंचायेचेर आशिल्ल्या मेट्रो मार्गाच्या पयल्या पांवड्याक  प्राधान्य मार्ग अशें नांव दिलां. ह्या पांवड्यात  आंतरराज्य बस टर्मिनल (आयएसबीटी) सावन भूतनाथ स्टेशन मेरेन मेट्रो सेवा चलतली. मेट्रो रेल्वे प्रकल्पाचें बांदकाम काम प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी फेब्रुवारी 2019 वर्सा सुरू केल्लें. ते भायर तो कॉरिडोर वनाच्या भूंयगत विभागाचो बुन्याद घालतले . शार उदरगत आनी घरां खात्यान आनी पाटणा मेट्रो रेल्वे म्हामंडळान सगली तयारी पुराय केल्या.मुख्यमंत्री पयलीं मेट्रो डिपोचें उक्तावण करतले, उपरांत मेट्रो रेल्वे सेवा औपचारीक सुरवात करतले. प्रवाशां खातीर मेट्रोची भोंवडी दनपारां उपरांत सुरू जातली.  तीन डब्यांचो आस्पाव आशिल्ले दरेक गाडयेंत दर भोंवडेक सुमार 900 प्रवासी  बसूंक शकतात. प्राधान्य कॉरिडोर रेड लायनीचेर प्रवाशांनी दोन स्टेशनां मदल्या थोड्याच प्रवासाक 15 रुपया, आनी सगळ्या स्टेशनां वयल्यान प्रवास करपा खातीर चडांत चड 30 रुपया भाडें फारीक करचें पडटलें. गोलघर, महाबोधी देवूळ, बुध्द स्मृति उद्यान, नालंदा महाविहार अशा बिहाराच्या इतिहासीक स्थळांचें चित्रण आशिल्ल्या मधुबनी चित्रांनी मेट्रो डब्यांची आकर्शक रचना केल्या.

Goyal

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल आयच्यान कतारांतल्या दोहा शाराचा  दोन दिसांचा भेटीर आसतले . ह्या भेटी वेळार गोयल आपल्या समकक्ष शेख फैसल बिन थानी बिन फैसल अल थानी हांचे वांगडा कतार-भारत संयुक्त आयोग बसकेच्या वेपार आनी वाणिज्य आयोगाचे अध्यक्षपद सांबाळटले. भारत कतार कडेन आशिल्ल्या वेपार आनी गुंतवणूक संबंदांक कितलें म्हत्व दिता हाचेर हे भेटींतल्यान स्पश्ट जाता अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान सांगलें. मंत्री  गोयल  कतार चेंबर आनी कतार बिझनेसमन असोसिएशनांतल्या हेर कतार मानेस्त आनी वयल्या पांवड्यावेल्या वेवसायीकांकय मेळटले.ते

इन्स्टिट्यूट ऑफ चार्टर्ड अकाउंटंट ऑफ इंडिया (आयसीएआय), इंडियन बिझनेस अँड प्रोफेशनल्स काउन्सिल (आयबीपीसी), कताराच्या दोहा चॅप्टराच्या प्रतिनिधीं वांगडा तशेंच कतारांतल्या कतार उद्देगांच्या वरिश्ठ वांगड्यां कडेन आनी भारतीय समाजा कडेन संपर्क सादतले . तशेंच वेगवेगळ्या मंत्रालयांतले वरिश्ठ अधिकारी आसतले . मंत्रालयान जोडलें की, तांच्या बसके वेळार दोनूय वटांनी द्विपक्षीय वेपाराच्या कामगिरीचो नियाळ घेवप, सद्याचे वेपारी आडमेळीं आनी बिगर दरवाड प्रस्नांचेर उपाय काडप, वेपार आनी गुंतवणूक प्रवाह वाडोवपा खातीर मार्ग सोदून काडपाची व्यापक चर्चा करपाची अपेक्षा आसा. ह्या उलोवपांत प्रस्तावीत भारत-कतार एफटीएचेर विचार करपाची शक्यताय आसा असो उल्लेख मंत्रालयान केला.

कफ सिरप - १२०

केंद्रान सगळी राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांक कफ सिरपाचो योग्य तरेन वापर करपाचे निर्देश दिल्यात. सामान्य खांकेखातीर स्वतंत्र वखदांची गरज नासता आनी तो आपूणूच बरो जाता, अशें केंद्राने म्हळा. दूषित कफ सिरपाक लागून हालीच कांय राज्यांनी भूरग्यांक मरण आयिल्ले त्या फाटभूंयेर, केंद्रान वखदा उत्पादकांनी सुधारित नेमांचे खरपणान पाळो दिवपाचेर भर दिला. भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्रालयान केंद्रीय भलायकी सचिव पुण्य सलिला श्रीवास्तव हांच्या अध्यक्षतायेखाला सगळी राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांची उंचेल्या पावंड्यावेली बसका आपयल्ली. हे बसकेत वखदा गुणवत्ता नेमांचे पालन करपाचो नियाळ घेतलो आनी खासा करुन भूरग्यांमदी कफ सिरपचो योग्य तरेन वापर करपाचेर भर दिलो.हेआदी, केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी नड्डा हांणी ह्या मुद्द्यांविशिचो नियाळ घेतील्लो आनी गरजेची कारवाय सुनिश्चित करपाखातीर राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांकडेन हे मुद्द्याचेर चर्चा करपाचे निर्देश दिल्ले.

Israel 117

इझ्राएल आनी हमास आयज इजिप्तांत अप्रत्यक्ष उलोवणी करतले आनी इझ्राएलाचे प्रधानमंत्री  बेंजामिन नेतन्याहून बंधक करार लागीं पावूं येता असो संकेत दिल्ल्यान झुजबंदीची आस्त निर्माण जातली. अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांच्या 20 मुद्द्यांच्या गाझा शांतताय येवजणेचेर आदारिल्ल्या ह्या वाटाघाटीचो हेत झुजबंदी, इझ्राएल सैन्य फाटीं घेवप आनी कैद्यांचो आदान-प्रदान करपा खातीर बंधक दवरपाचो हेतू आसा. इझ्राएलाची लश्करी कारवाय सोंपपाच्या बदलाक 48 बंधकांक सोडप आनी निशस्त्र करपाचें हमसान तत्वीक नदरेन मान्य केलां. रॉन डर्मर हाच्या फुडारपणा खाला इझ्राएलाचे शिश्टमंडळ हमासाच्या पंगडा वांगडा आनी अमेरिकेचो दूत स्टीव विटकोफ हांचे वांगडा उलोवपांत सामील जाले. अमेररकाचो विदेश सचीव मार्को रुबियोन सांगलें की हें ते पुराय बंधक सोडपाक सगळ्यांत लागीं पावल्यात आनी ही प्रक्रिया मुखार व्हरपाक मजत करपा खातीर हवाई हल्लो थांबवपाचो उलो मारलो.

bihar

बिहारांत जावपी विधानसभा वेंचणुके आदीं, राज्यांतली वेंचणूक प्रक्रिया वाडोवपा खातीर भारतीय वेंचणूक आयोगान 17 नवे उपक्रम सुरू करपाची घोशणा केल्या.पाटणांत येवपी वेंचणुकेचे तयारेचो नियाळ घेतले उपरांत पत्रकार परिशदेंत उलयतना मुखेल वेंचणूक आयुक्त ज्ञानेश कुमार हांणी  फुडाराक देशभरांत अंमलबजावणी करपा खातीर ह्यो खबरो सुदारणा आदर्श थारतली अशे सांगला.  मतदारांक मतदान केंद्रांच्या भायल्या वाठारा मेरेन मोबायल फोन व्हरपाक मेळटलो अशेंय तांणी जाहीर केलें . मतदान केंद्रां पासून फकत शंबर मीटर अंतराचेर राजकी पक्षांक मतदान एजंट बूथ स्थापन करपाक मेळटले, जाका लागून लोकशाय प्रक्रियेचेर लोकांचो विस्वास वाडोवपाक मदत जातली अशें मुखेल वेंचणूक आयुक्तान फुडें सांगलें. तशेंच ईसीआय नेट अर्जाची प्रगतीशील अंमलबजावणी करपाचो उल्लेख तांणी केला.

Gst

जीएसटीची नवी सुदारणा आसामाच्या विणकारांक, शेतकारांक, आनी ल्हान वेवसायांक व्हडली सुटका जाल्या. सुदारीत दरांतल्यान राज्यांतल्या जायत्या पारंपारीक आनी प्रादेशिक वस्तूं वयल्यान कर उणे केल्यात. ह्या सुदारणेचो खास करून आसामाच्या च्या उद्देगाक फायदो जाता, जाचे कडेन आतां फकत 5 टक्के जीएसटी आसा, जाका लागून ताचीं उत्पादनां सवाय आनी देशी आनी आंतरराष्ट्रीय बाजारांत चड स्पर्धात्मक जातात. आसामाच्या गिरेस्त हातमाग आनी हस्तकला क्षेत्रांतय व्हडलीशी सुटका मेळटली कारण ह्या क्षेत्राचेरूय जीएसटी 5 टक्क्यां मेरेन उणी जाल्या.

imd

भारतीय हवामान खात्यान आयज दिल्ली, हरियाणा, पंजाब, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, उत्तराखंड आनी राजस्थानात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला आनी orange अलर्ट जारी केला . हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या दोन ते तीन दिसांत ईशान्य राज्यांच्या कांय वाठारांनी, उप हिमाल, अस्तंत बंगाल, सिक्किम, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी अस्तंत उत्तर प्रदेशांत मध्यम ते चड पावस पडपाची शक्यताय आसा

क्रिकेट

कोलंबोतल्या आर. प्रेमदासा स्टेडियमात काल जाल्ल्या बायलांच्या एका दिसाच्या संवसारीक कप क्रिकेट वस्तादपण सर्तीतल्या खेळात भारतान पाकिस्तान पंगडाचेर ८८ धावंड्यांनी जैत मेळयले.